Panaji Regional 4th January 2025 7.25am

रश्मी

शेतजमनी पडीक दवरु नाकात, तातुन पीक घेयात, सरकार शेतकाराक सदाच वेगेवगळ्या येवजण्यांवरवी तेको दिता. कम्युनिटी फार्मिंग येवजण सरकार फुडल्या १५ दिसा भितरचालीक लायतले अशी म्हायती मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दिल्या. भातशेतीच्या पारंपरीक शेती सयत, mixed cropping पध्दत, हरसाणो. चवळी, फुलांची लागवड, फळांची लागवड, डेअरी लागपी गोरवांचे खाणाच्या चाऱ्यांची शेती,हळद, तशेंच वायंगण शेती आनी हेर पिकावळीतल्यान शेतकाराक बरे उत्पन्न जोडु येता अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला. हालीच आडवेळ्या पावसाक लागुन शेताचे लुकसाणा जाल्या शेतकारांक शेतकरी आधार निधी वरवी अर्थिक मजत दिवपी मंजुरी पत्राच्या वाटपाच्या कार्यावळीत मुखेलमंत्री - उलयताले .bytes SHETKARIAADAHAR निधी SCHME

ह्या येवजणेवरवी ३हजार ९५० शेतकारंक ३ कोटी ६८ लाख रुपयाच्या अर्थिक निदीची मजत केला अशे तांणी म्हळा. ह्यावेळार मयेचे आमदार प्रेमेंद , दिवचलचे आमदर दोतोर चंद्रकां शेट्ये, गोंय शेतकी खात्याचे संचालक संदिप फळदेसाय, शेतकार,तशेंच हेर मानेस्त हाजीर आशिल्ले. ह्या येवजणेवरवी अर्ज केल्लया पात्र थारपी १०० टक्के शेतकारांचे अर्ज मान्य केल्यात अशे ह्यावेळार मुखेलमंत्र्यान म्हळा.

---

साखळी नगरपालिका आनी राज्य शहरी उदरगत मंडळ हांच्या जोडपालवान अमृत 2.0 मिशनाखाला साखळेच्या वाळवंटी न्हंयचे देंगेर जावपी सौंदर्यीकरण आनी उदरगत कामांचो बुनियादी फातर बोसोवपाचो सुवाळो आयज सकाळी 10 वरांचेर साखळी हांगसर जातलो. या सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हुण म्हणून राज्याचे मुख्यमंत्री डॉक्टर प्रमोद सावंत हजर आसतले. त्यांच्या सांगतात मंत्री विश्वजीत प्रतापसिंग राणे मानाचे सोयरे म्हणून हजर आसतले.

---

12- 16 जानेवारीक जावपी शियाळी अधिवेशनाक पर्यावरणाचो इबाड, वाडटे गुन्हयाव, अपघात, बेरोजगारी, म्हागराय, भ्रष्टाचार, तशेचं प्रशासनाचे अक्याक्षमता, तशेच सराकरान पुराय करुंक नाशिल्लया आस्वासनावेल्यान सराकराक धारेर धरतले अशी म्हायती विरोध पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हांणी दिला.

---------------------------------------------------------

–येस मेळोवपाक शॉर्टकट नासता. आयच्या ह्या सर्तीच्या काळांत खंयच्याच मळार कश्टाक पर्याय ना, अशें मत अभिनेती वर्षा उसगांवकार हांणी उक्तायलें. गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री वतीन जाल्या अस्तुरी कार्यावळीच्या उक्तावण सुवाळ्यांत ती उलयताली. ह्या वेळार संघटनणेची अध्यक्ष प्रतिमा धोंड, एमएसएमई संचालक एम के मीना, सँड्रा फर्नांडीस, संजय आमोणकार हाजीर आशिल्ले.

Weather –

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण काल पणजेत चडात चड तापमान३0.6ऑंश सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे तापमान २१.1 ऑंश सेल्सिअस नोंद जाला.

Sports –

विजय हजारे ट्रॉफी एलीट क्रिकेट सर्तीत गोंय पंगडाक उत्तराखंड पंगडा आड 7 विकेटींनी हार घेवची

पडली. जयपूरांतल्या के.एल. सैनी स्टेडियमाचेर जाल्ले मॅचींत गोंयान पयलीं बॅटोंग करतना 49.1 ओव्हरींनी 270 धांवड्यो केल्यो. उत्तराखंडान 46.2 ओव्हरींनी फक्त 3 विकेटी व्हगडावन 274 धांवड्यो करून जैत जोडलें.